# राज्यपालाकडल्यान ईद-उल- फित्रची परबीं

ता. 24 मे 2020

राज्यपाल श्री. सत्यपाल मलीक हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून मुस्लिम समाजाक ईद-उल-फित्रच्या शुभ प्रसंगार आपली परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, " ईद-उल-फित्र परबेन रमजान हो उपासाचो पवित्र म्हयनो सोपता. ईद-उल-फित्र सणाच्या प्रसंगार मुस्लीम बांधवांनी गरजूंक दानधर्म करपाची आनी आपले कुटुंब आनी इश्टांवांगडा हो पवित्र म्हयनो सोपिल्ल्याचो उत्साह मनोवपाची वेळ आसा. ईद-उल-फित्र मोग आनी बरेपणाचो सण. हो सण आमकां सगळ्यांचो मोग करपाचो संदेश दिता. हो सण आमकां भावपण आनी शांतीकायेन एकवटीत रावपाची शिकवण दिता. हो सण आमकां दुस्वास, मत्सर आनी दुस्मानकाय सोडपाक आनी मोग, दया आनी भावपण हांडपाक प्रवृत्त करता.

राज्यपाल फुडें म्हणटा, गोंय हे परंपरेन शांतीकायेचे राज्य, जंय वेगवेगळी श्रध्दा आशिल्ले लोक सलोखो आनी समजीकायेन रावतात. हांव गोंयच्या लोकांक ही समृध्द परंपरा राखून दवरपाचो उलो मारता. आयज सबंध देश कोवीड-19 च्या संसर्गाक तोंड दिता आसतना, हांव प्रत्येकाक सोशल डिस्टन्सींग उपायांचे पालन करून आनी आपल्या घरात रावन हो सण मनोवपाचो उलो मारता.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/276

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA